**साखळीच्या सरकारी म्हाविद्यालयांत ड्रोन रिमोट सेन्सिंग चेर कार्यक्रम जालो**

ता. 10 एप्रिल 2025

आसगांवच्या आग्नेल टेक्नोलॉजी आनी डिजायन संस्थेच्या इलेक्ट्रॉनिक आनी कॉम्पूटर इंजिनियरींग विभागान साखळीच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या सहकार्यान ड्रोन रिमोट सेन्सिंग आनी जीआयएस चेर पाच दिसाचो फॅकल्टी डेव्हलपमेंट कार्यक्रम आयोजीत केलो.

कार्यक्रमाच्या समारोपाक आग्नेल तांत्रिक शिक्षण संस्थेचे सहाय्यक संचालक रेव्ह. फा. विकी हिलारियो, उच्च शिक्षण संचालनालयाचे संचालक श्री. भुषण के. सावयकर, प्रो. डॉ. नियान मार्कोन, आग्नेल टेक्नोलॉजी आनी डिजायन संस्थेचे प्राचार्य लक्ष्मीकांत बोर्डेकर, साखळीच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाचे प्रभारी प्राचार्य नामदेव गावस हे उपस्थित आशिल्लें.

स्पेशल क्राफ्ट संस्थेचे संस्थापक आनी जिओस्पेशल कन्सल्टंट माल्कॉम आफोन्स, बंगळूरू तंत्रज्ञान संस्थेचे प्रो. होनी गौडा, बंगळूरच्या प्रेसिडन्सी विद्यापिठाचे डॉ. चिंतामणी पै, गरूडा एरोस्पेसचे डॉ. पी. आनंद आनी हिरेन गाब्रियल हे कार्यक्रमाचे रिसोर्स पर्सन आशिल्लें.

सिध्दांत जल्मी, अक्षरा नाईक, मॅग्नोलिया मिरांडा आनी ब्रम्हानंद सावंत हे कार्यक्रमाचे समन्वयक आशिल्लें. उच्च शिक्षण संचालनालयान हो फॅकल्टी डेव्हलपमेंट कार्यक्रम पुरस्कृत केल्लो. राज्यांतल्या म्हाविद्यालयांचे 25 शिक्षक ह्या कार्यक्रमात सहभागी जाल्ले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/341

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.